**Panaji Regional News**
**11 Jan 026,7.20pm**

## अधिवेशन

महामहीम राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे अभिभाशणान पाच दिसांच्या हिवाळी अधिवेशनाची फाल्या सोमारसावन सुरवात जातली. बर्च दुर्घटणेत जाल्या 25 जाणांच्या मरणाविशीचो उल्लेख अभिभाशणात आसतलो काय? हे विशी उमळशीक आसा. अधिवेशन शुक्रार 16 जानेवारी मेरेन चलतले. फाल्या पयले दिसा राज्यपालांच्या अभिभाशणा उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कामकाज सल्लागार समितीचो अहवाल सभाघराच्या पटलाचेर दवरतले. पयले दिसा फकत राज्यपालांचे अभिभाशण इतलेच कामकाज आसा. मंगळार सावन प्रस्नोत्तराच्या सत्रान कामकाजाक सुरवात जातली. भूंयमहसूल दुरूस्ती, वॅट दुरूस्ती ही विधेयकां सभाघरात सादर जातली. शुक्रारा निमणो दिस हो खासगी कामकाजाचो दीस आसतलो. हे दिसा खासगी प्रस्तावाचेर चर्चा जातली.

## मराठी संमेलन समारोप

मराठी भाशा गोंयांत पुरातन काळा सावन आसा. मराठी भास, मराठी संस्कृताय आनी मराठी मनीस हे त्रिकुट चडानचड परिणामकारक थारचें, अशी आस्त केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांणी जागतिक मराठी संमेलनाच्या समारोप सुवाळ्याक उक्तायली. मुखेल सोयरे हे नात्यान ते उलयतालें.पणजे कला अकादमीत आयज शोध मराठी मनाचा ह्या 21व्या संसारीक मराठी संमेलनाचो समारोप जालो. हे वेळार ते उयलयातले. भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, कला अकादमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार हे समारोपाक हाजीर आशिल्ले.संवसारीक मराठी संमलेनाचे उक्तावण शुक्रारा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जाले. फाटले तीन दिस संमेलनात तरेकवार विशयाचेर परिसंवाद तशेच मुलाखती जाल्यो. समारोपावेळार गोंयच्या आयोजन समिती वांगड्यांचो भोवमान जालो.

## नुस्ते महोत्सव समारोप

कांपालावेल्या ॲक्वा गोवा मेगा फीश फेस्टिव्हलाचो समारोप आयज राती जातलो. भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हे समारोपाक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले.शुक्रारा 9 जानेवारीक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी फिश फेस्टीवलाचे उक्तावण जाल्ले. तीन दीस चलपी महोत्सवांत प्रदर्शन तशेंच सांस्कृतीक कार्यावळी जाल्यो.नुस्तें आनी ॲक्वाकल्चर ह्या विशयाचेर परिशद जाली. परिशदेंत दर दिसा सकाळीं तरेकवार विशयांचेर परिसंवाद जाले. पोस्टरांचे सादरीकरण जालें. नुस्तेकारांक तरेकवार सुविदा आनी उपकरणा दिवन तांचो वेवसाय घटमुट करपाक सरकाराचे प्राधान्य आसतलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उक्तावणाचेर स्पश्ट केल्ले.

## सुभाष शिरोडकार

खेळां सर्तींतल्यान तरणाट्यां मदीं शिस्त आनी उर्जा निर्माण जाता. खेळ हो जिणेचो अभिन्न भाग अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगले. शिरोडाच्या शिरोडा पंचायतीच्या सुभाष चंद्र बोस मैदानाचेर आयोजीत केल्ल्या बेतकी प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीचें उक्तावण मंत्री

सुभाष शिरोडकर आनी बोरीचे सरपंच सागर नायक हांच्या हाजिरेंत जालें. उक्तावण उपरांत मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी प्रेक्षकांक संबोधीत करतना शारिरीक फिटनेस आनी सक्रिय जिणे पद्दतीचें म्हत्व सांगलें. ह्या उक्तावणाक लागून खेळांत तरणाट्यांचो वांटो वाडोवपाचो आनी समाजीक समरसताय वाडोवपाच्या हेतान आयोजीत केल्ली क्रिकेट सर्त अधिकृतपणान सुरू जाली. उक्तावण सुवाळ्याक व्हड प्रमाणांत खेळगडे, खेळां मोगी आनी थळावे नागरिक हाजीर आशिल्ले.

**मुख्यमंत्री**

मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या तरणाट्यांक स्वामी विवेकानंद हांच्या जल्मदीस निमतान युवा दिसा निमतान उमेदीन परबीं आनी शुभेच्छा दिल्या.तरणाटे हे राष्ट्राची फाटीची कणो आनी ताचो फुडार घडोवपाक निर्णायक भुमिका करतात हाचेर डॉ सावंत हांणी आपल्या संदेशांत भर दिलो. आयच्या अत्यंत स्पर्धात्मक संवसारांत शिक्षणाक सगळ्यांत चड म्हत्व आसा, कारण तातूंतल्यान तरणाट्या मनांक येस मेळोवपाक आनी समाजांत अर्थपूर्ण योगदान दिवपाक गरजेचीं गिन्यान, कुशळटाय, शिस्त आनी मुल्यां सशक्त जाता अशें तांणी रेखांकित केलें.स्वामी विवेकानंदाच्या आदर्शांतल्यान प्रेरणा घेवन तरणाट्यांक शिक्षण, नवनिर्माण, आनी चरित्र निर्मितीचेर लक्ष केंद्रीत दवरचें अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. तांणी आपली उर्जा आनी प्रतिभेक सकारात्मक दिशेन व्हरपाक आनी जबाबदार नागरीकत्व, समाजसेवा, उद्देजकता, आनी उदरगतीच्या उपक्रमांनी वांटो घेवन राष्ट्र निर्माण करपाच्या सरकाराच्या यत्नांत सक्रीयपणान सामील जावपाचो उलो मारलो.

**बायलां संगीत नाटक सर्त**

फाटल्या दशका सावन राजीव गांधी कला मंदिरा कडल्यान सतत चालू आशिल्ली बायलां संगीत नाटक सर्त ही खऱ्या अर्थान बायलां सशक्तीकरणाची एक व्हड देख. राजीव गांधी कला मंदिरासारक्यो संस्था आपल्या वावरांतल्यान मराठी नाट्यभूंय जिवी दवरपा खातीर मदत करतात ही एक तोकणायेची गजाल. हो उपक्रम राज्यांतल्या सगल्या तालुक्यांतल्या कला मंदिरांनी चालीक लावचो आनी बायलांक प्रोत्साहन दिवचें अशें वरिश्ठ नाट्य कलाकार डॉ.अजय वैद्य हांणी सांगलें. काल शेनवारा फोंडा हांगा राजीव गांधी कला मंदिरान आयोजीत केल्ल्या सरगेस्त किशोरीताई हळदणकाराच्या उगडासाक जावपी इकराव्या अखिल गोंय बायलांच्या संगीत नाटक सर्तीच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले. ह्या वेळार राजीव गांधी कला मंदिराचे सांस्कृतीक सचीव सुनील केरकर, दीपक नायक, श्रीकांत गावडे, परीक्षक उजवाला तारकार, नाट्यकर्मी देविदास आमोणकार, प्रचला आमोणकार आनी हेर मानेस्त माचयेर हाजीर आशिल्ले. दिवो पेटोवन आनी उपरांत किशोरीताई हळदणकाराच्या फोटोक फुलांची श्रद्धांजली दिवन नाटक सर्तीचें उक्तावण जालें. पेडणेच्या संत सोयरोबानाथ आंबिये सांस्कृतीक बायलां क्लबान सादर केल्ल्या संत अवघी विठई माझी ह्या नाटकान सर्तीचें उक्तावण जालें.

**फोंडा लायन्स क्लब**

फोंडाच्या लायन्स क्लब ऑफ फोंडा आनी गोवा शिपयार्ड हांणी दक्षिण गोंयांतल्या क्षयरोग दुयेंतींक जानेवारी महिन्यात फुकट जिवीत गरजेचीं वस्तूचे वाटप केले. दक्षिण गोंयांतल्या भलायकी केंद्रांच्या सुमार 125 दुयेंतींक हीं जिवीत गरजेचीं वस्तू दिली. गोंय शिपयार्डाच्या सीएसआर येवजणे खाला दर वर्सा क्षयरोगी दुयेंतींक गरजेच्यो वस्तू वांटतात, ही कार्यावळ दक्षिण गोंयांतल्या चिखली, लोटोली, फोंडाचे आयडी हॉस्पिटल आनी दक्षिण गोयातल्या हेर आरोग्य केंद्रांत चालीक लायली. ह्या वेळार चिखली भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी , फोंडा लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष शिवप्रसाद साळकर, लायन चंदन कुमार नाईक, आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना अध्यक्ष शिवप्रसाद साळकर हांणी लायन्स क्लबच्या कार्याची माहिती दिली. मूखार उलयताना तानी सांगलें की लायन्स क्लबाचें काम समाजाच्या जायत्या घटकांक मजतीच्या रुपान संवसारभर चालू आसा आनी गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या लायन्स क्लबांनी समाज उपयोगी कामां सतत चलयतात. ह्या वेळार उलयतना तांणी लायन्स क्लबाचे वांगडी समाजांतल्या अंत्योदय तत्वा मेरेन मदत पावपाचें काम सदांच करतात आनी फुडाराक फोंडा लायन्स क्लब कडल्यान जायत्यो उपेगी कार्यावळी चालीक लायतले अशेंय तांणी सांगलें. क्षयरोग दुयेंतींक ल्हान ल्हान मजत मेळोवपा खातीर फाटल्या वरसा सावन गोवा शिप्यार्डच्या सहकारान सतत ही कार्यावळ चालीक लायतात. तसेच, लायन्स क्लब ऑफ फोंडा पंचक्रोशींत जायत्यो समाजीक उपेगी कार्यावळी चालीक लायतात अशें सांगले.